**11 जुलय, 2016 दिसा सकाळीं 10:00 वरांचेर जय किसान क्लब सभाघर, एअरवे स्कुला लागीं, झुवारीनगर, गोंय हांगा घडून आयिल्ले पर्यावरणी भौशीक सुनावणेचें इतिवृत्त**

**ही सुनावणी:**
**मे. झुवारी एग्रो कॅमिकल्स लिमिटेड (झेड.ए.सी.एल.) हांच्या सद्याच्या संकुलांतच प्रस्तावीत वेव्हारीक एन.पी.के. उत्पादना खातीर 30 टी.पी.एच. सारें संमिश्रण उद्देग, 25 एम.डब्ल्यू. सयत एम.पी.स्टीम (37 कि.ग्रा./ सें.मी.जी) गॅस टर्बायन (जी.टी.), 50 एम.टी./ वर अनफायर्ड क्षमताये सयत (70 एम.टी./ वर पुरक फायरींगे सयत) उर्जा पुनर्प्राप्ती बाश्प निर्मिक (एच. आर. एस.जी.) आनी 1x5000 एम.टी. वातावरणी अमोनिया सांठवण टाकी तशेंच युरिया ग्रॅन्युलेशन प्लॉट (युरिया उत्पादनांत 1500 मॅ.ट.प्र.दी. ते 1800 मॅ.ट.प्र.दी. मेरेन वाड) - म्हणल्यार युरिया प्रिलिंग 1200 मॅ.ट.प्र.दी. + युरिया ग्रॅन्युलेशन युनिट: 600 मॅ.ट.प्र. दीस हे खातीर घडून आयली.**

ही भौशीक सुनावणी प.रा. मंत्रालयाच्या 14/09/2006 तारखेच्या सुदारीत प.प्र.त. अधिसुचोवणे प्रमाण घडून आयली. दक्षिण गोंयचे अतिरिक्त कलेक्टर-II हांणी भौशीक सुनावणेक जमिल्ल्या लोकांक येवकार दिलो आनी प्रकल्प प्रस्तावकान आपलें सादरीकरण केल्या उपरांत ज्या लोकांक तांचीं मतां/हरकती/सुचोवण्यो करपाच्यो आसल्यार करपाची विनवणी केली. तीं मतां/ हरकती/ सुचोवण्यो हांची नोंद करतले आनी पर्यावरणी मंजुरे संबंदांत कारवाय करपाचे नदरेन संबंदीत नियमन प्राधिकारिणी कडेन धाडटले, अशें तांणी सांगलें. उपरांत प्रकल्प प्रस्तावकाच्या प्रतिनिधीन प्रकल्पा संबंदांत कोंकणी भाशेंतल्यान पावर पॉयंट सादरीकरण करून माहिती दिली.

उपरांत अध्यक्ष/ अतिरिक्त जिल्ल्याधिकारी हांणी ज्या कोणाक प्रकल्प प्रस्तावका कडल्यान माहिती/ स्पश्टीकरण जाय तांकां उलोवपाक आफयले.

<u>सुरवातेची हरकत</u>

श्री. सावियो कुरैय्या हांणी सुरवेची हरकत घेतना सांगलें: प.प्र.त. अधिसुचोवणेच्या अनुच्छेद 2.4 प्रमाण, प.प्र.त. अहवाल हेर भौशीक सुवातीं भायर भौशीक वाचपघरांनी लेगीत दवरपाची गरज आसा. आपलें म्हणणें मांडटकीच लिखीत नदरेन हरकत भेटयतना, दिल्ली उच्च न्यायालयाचो एक आदेश आनी 2012-13 सुनावणेचे प्रक्रियेक सारको पाळो दिवंक नाशिल्ल्यान रद्द जाल्ल्या सुनावण्यांचीं खबरांपत्रांतलीं कात्रणां तांणी सादर केलीं.
आयजचे भौशीक सुनावणेक लोक हजर नाशिल्ल्यान ती स्थगीत करची आनी मुखावयले तारखेक घेवची, अशें मत कांय जाणांनी उकतायलें.

अध्यक्ष/ अतिरिक्त जिल्ल्याधिकाऱ्यांनी प.प्र.त. अहवालाची प्रत भौशीक वाचपघरांनी दवरूंक नाशिल्ल्याचें सांगलें. पूण प.प्र.त. अहवाल साबार भौशीक सुवातांनी दवरपा संबंदांतली अधिसुचोवणी तांणी वाचून दाखयली आनी ते प्रमाण केलां अशें सांगलें.
प.प्र.त. अहवालाचो संदर्भ भौशीक सुनावणेक अनिवार्य आसना. सेगीत दोन दीस वाहनाचेर ध्वनीक्षेपक लावन तशेंच भौशीक सुवातांचेर पोस्टर लावन लोकांक हे सुनावणे विशीं कळीत केल्लें. सुरवातेच्यो हरकती आयकतकीच, प.प्र.त. च्या अनुच्छेद 2.4 चो उद्देश सरभोंवतणी कितें घडटा आनी घडटलें ते विशीं लोकांक कळीत करपाच्या वावरांत पारदर्शकताय हाडपाचो आसता, अशें तांणी सांगलें.

तशेंच प. प्र. त. अहवाल भौशीक सुवातो वा भौशीक वाचपघरांनी लोकांचे माहिती खातीर दवरचो अशें अनुच्छेद 2.4 भितर नमूद केलां. थंय 'आनी' अशें उतर नासून 'वा' अशें उतर आशिल्ल्यान तांणी सुरवेची हरकत मानून घेनासतना, प्रकल्प प्रस्तावकाक सादरीकरण करपाची सुचोवणी केली.

ते प्रमाण सकयल्या व्यक्तींनी सकयल दिल्ले प्रमाण मुद्दे उपस्थीत केले / सुचोवण्यो केल्यो:

| | |
|---|---|
| 1. | श्री. आर. जी. फुर्तादि, फातोड्डें |
| | सुनावणेची प्रसिध्दी करपी परिपत्रका सयत एक पत्र इतिवृत्ताचो वांटो म्हूण भेटयलें. |
| प्रस्न | दर्याक जोडिल्ली पायपलायन बंद करप.<br>- जोडिल्ल्या परिपत्रका प्रमाण 10 दिसां भितर प्रदुशण नियंत्रण मंडळान नोटीस धाडपा संबंदांत धाडिल्ली ई-मेल.<br>- गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळाचे तपासणी अहवाल, जातूंत सांडपाणी दर्यांत सोडटात अशें म्हणलां.<br>- पायपलायन बंद करपा संबंदांत गों.रा.प्र.नि. मंडळान कंपनीक धाडिल्लीं 2 पत्रां.<br>- हाचे फुडें आपणाक उदक उणें लागतलें आनी आपणा लागीं जाय तितली उदकाची सुविधा आसा असो दावो कंपनीन केला, देखून आपल्या मतान पायपलायन बंद करूंक जाय.<br>- आपूण दर्यांत कसलेंच सांडपाणी सोडिना, असो दावो कंपनी फाटलीं 40 वर्सां करता आनी कंपनीन गों.रा.प्र.नि. मंडळा कडल्यान निर्धारीत अटीं प्रमाण खंयचीच पूर्व-परवानगी घेतिल्ली ना.<br>- देखून पायपलायन सीलबंद करची. |

| | |
|---|---|
| | - जमनीचो 'टायटल डीड' कंपनीच्या नांवान आसा काय ना ताचे विशीं माहिती दिवची.<br>- 7 जुलाय, 2016 दिसा गों.रा.प्र.नि. मंडळाक धाडिल्ल्या पत्राची जाप दिवची. |
| प्रकल्प प्रस्तावाची जाप | - 150 घ.मी. क्षमतायेचे दोन सांठवण तलाव आसात.<br>- दरेकीं 300 घ.मी. क्षमतायेचे तीन धारक तलाव.<br>- 650 घ.मी. क्षमतायेचो एक रक्षक तलाव.<br>- युटिलिटी, बॉयलर चिमणी हांचे खातीर 15 जुलाय, 2013 दिसा सुरू जाल्ल्यो ऑनलायन सी.ई.एम.एस.<br>- 31 मे, 2015 दिसा सुरू जाल्ली अमोनिया रिफॉर्मरा खातीरची सी.ई.एम.एस.<br>- हो उद्देग शुन्य सांडपाणी उद्देग जावन आसा. हे पायपलायनीची देखरेख केंद्रीय प्रदुशण नियंत्रण मंडळाच्या आदेशा प्रमाण कॅमेऱ्याचेर आनी फ्लो मिटराचेर चालू आसा. ही देखरेख वा तपासणी प्रत्यक्ष काळ तत्वाचेर जाता आनी ती कें.प्र.नि. मंडळ करता.<br>- जमीन मालकेचो विशय - ह्या विशयाचो प्रस्तावीत प्रकल्पा कडेन थेट संबंद नाशिल्ल्यान योग्य त्या थराचेर ताका जाप दितले.<br>- विस्तार / आधुनिकीकरण सद्याच्या फॅक्टरी संकुलांत जातलें आनी 'झुवारी एग्रो कॅमिकल्स' ह्या कंपनीच्या नांवाचेर ह्या उद्देगाचे दोनूय सर्वे क्र. आसात.<br>- गों.रा.प्र.नि. मंडळाक 7 जुलाय, 2016 दिसा बरयल्ल्या पत्रांतल्या प्रस्नांक कंपनी जापो दितली. |
| 2. | नारायण नायक, सांकवाळ |
| प्रस्न | - सांकवाळ कोम्युनिदादी कडेन कसलोच लीज-डीड जाल्लो ना.<br>- तशेंच कंपनी कडल्यान तांकां कसलोच प्रस्ताव येवंक ना.<br>- प्रदुशणाक लागून शेतां नश्ट जाल्यांत ते नदरेन कंपनीन खंयच्यो उपाय-येवजण्यो केल्यात?<br>- लोकांक आयजचे भौशीक सुनावणे विशीं खबर नाशिल्ल्यान ते येवंक नात.<br>- कंपनीच्या सद्यो इमारतीचो अधिकृत प्लॅन आसा व्हय? ना जाल्यार तो मंजूर करून घेवचो. कर निर्धारण करचें. |
| प्रकल्प प्रस्तावकाची जाप | - जमीन आनी कर हांचे विशीं स्पश्टीकरण दिवपाचें हें व्यासपीठ न्हय. |

| | |
|---|---|
| | - प. प्र. त. अहवालांत उदक वापराचे तपशील दिल्ले आसात. |

| | |
|---|---|
| | - रिवर्स ऑस्मोसिस हाचे आदींच बसयल्या.<br>- उदकाचें पुनर्चक्रीकरण / पुनर्वापर जाता.<br>- दरेका आधुनिकीकरणा उपरांत उदकाचो वापर उणो जाता वा पुनर्चक्रीकरण जाता. |
| 3. | सावियो कुरैय्या, मांगोर हील वास्को |
| प्रस्न | निशेधा सयत सकयल्लीं सादरीकरणां केलीं:<br>1. प्रकल्पाचें थळ सी.आर.झेड. वाठारा खाला आसपावता. सी.आर.झेड. खाला नवे उद्देग स्थापन करूंक आनी आशिल्ल्या प्रकल्पाचो विस्तार करूंक मनाय आसा.<br>2. प.प्र.त. अहवालाच्या मसुद्यांत अभ्यास वाठारा मजगतींच्या खाजगी रानांनी आसपावपी पर्यावरणी-संवेदनशील वाठारांचो विचार करूंक ना.<br>3. कामगारांचें जिवनमान सुदारपा खातीर कांयच करूंक ना.<br>4. बांदकाम कोयराच्या विल्या संबंदान कांयच उल्लेख ना.<br>5. संदुशीत मातये संबंदांत कंयच उल्लेख ना.<br>6. उत्पादन प्रक्रियेंतल्या स्त्रावां संबंदांत कांयच उल्लेख ना.<br>7. कार्यान्वयन काळांत घातक कोयराचे हाताळणे संबंदी परस्पर-विरोधी माहिती दिल्या.<br>8. प्रकल्पाची मागणी पुराय करपाची सद्याच्या रस्त्यांची तांक ना. देखून वास्को शारांत येरादारीची कोंडी जातली.<br>9. एन.पी.के. च्या चड प्रमाणांतल्या वापराक लागून धोको निर्माण जातलो.<br>10. 10 कि.मी. वाठारांतल्या ओलेत्या जमनींचेर कसलो प्रभाव घडटलो ? हे संबंदी अहवालांत कांयच उल्लेख ना. |
| प्रकल्प प्रस्तावकाची जाप | - प्रस्तावीत प्रकल्प सद्याच्या परिसरांत जातलो. प्रकल्प प्रस्तावकान जी.सी.जी.एम.ए. हे संस्थे कडेन संबंद सादला आनी ते संस्थेन हे विशीं शिफारशी केल्यात. ह्या गजालींचो विचार पर्यावरणी मान्यताय दिवच्या वेळार प.रा.मंत्रालय करतलें. अंतीम अहवालांत ताचे तपशील दितले.<br>- खाजगी रानां लाग नाशिल्ल्यान तांचो अभ्यास करूंक ना. अभ्यास वाठारांतल्या खाजगी रानांची वळेरी दिली जाल्यार प्रकल्प-प्रस्तावक विशिश्ट खाजगी रानांचो विचार करूंक तयार |

| | |
|---|---|
| | आसा.<br>- कामगारांच्या जिविता विशींच्यो गजालींचो कंपनीन फावो तितले विचार केला आनी राज्य तशेंच केंद्र सरकाराच्या नेमां प्रमाण तांकां सुविधांची पुरवण करतले.<br>- बांदकाम कोयर संबंदीत नियम आनी कायद्या प्रमाण वेगळो करतले आनी ताचो विलो लायतले.<br>- प्रस्तावीत प्रकल्पाक लागून जमनीचें संदुशण जावचें ना<br>- प.प्र.त. अहवालांत प्रस्तावीत स्रावांची ठळकपणान वेगळावणी, सरभोंवतणेचे हवेचेर जावपी संभाव्य प्रभावा सयत केल्या आनी तिचे प्रमाण मुळाधार भोंवतणेची हवा दर्जाचेर जावपी प्रभाव किरकोळ स्वरुपाचो आसतले, अशें दिश्टी पडलां.<br>- प्रस्तावीत प्रकल्पाक लागून घातक कोयराच्या प्रमाणांत नगण्य वाड जातली.<br>- वेव्हारीक सारीं सुविधे खातीरचो कच्चो माल लागींच्या जिल्ल्यांतल्यान प्राप्त जातलो आनी तो हाडपी ट्रक एम.पी.टी. - झुवारीनगर मार्गा वयल्यान यो-वच करचे नात. तयार उत्पादनां महाराष्ट्र आनी कर्नाटकाच्या जिल्ल्यांनी धाडटले देखून वयले प्रमाण येरादारीची कोंडी जावची ना.<br>- वेव्हारीक एन.पी.के. सारीं प्रकल्प, मातये प्रमाण/ पिकां प्रमाण सारीं दिवपाच्या उद्देशाची पुर्तताय करता आनी त्या साऱ्यांनी सुक्षीम पुश्टीक घटकांचो आसपाव आसता.<br>- अभ्यासाचो वांटो म्हूण तलाव, झरी आनी धरणांतल्या उदकाचे नमुने एकठांय केल्यात. खारफुटी तशेंच हेर सुक्षीम वनस्पती आनी मोनजाती हांचो अभ्यास केला. कंपनीचे उपक्रम आनी हेर ओलेत्या जमनींचो प्रत्यक्ष संबंद नाशिल्ल्यान, ओलेत्या जमनींचो अभ्यास करूंक ना. |
| 4. | रमाकांत बोरकार - सरपंच, सांकवाळ ग्रामपंचायत. |
| प्रस्न | - प्रकल्प सद्याचेच जमनी भितर आसतलो वा ना ? भोपाळ वायू गळटी सारकी दुर्घटना जावची न्हय, देखून सगळे तरेच्यो उपाय-येवजण्यो करूंक जाय.<br>- जर ह्या प्रकल्पाक लागून घातक प्रस्न ना आनी जर ती लोकांक लाबदायक आसा जाल्यार प्रकल्पाक विरोध ना. लोकांच्या मनांतले दुबाव काडून उडोवंक जाय.<br>- हो प्रकल्प खंयची कंपनी उबारता? झुवारी एग्रो कॅमिकल्स काय |

| | |
|---|---|
| | झुवारी इंडस्ट्रीज काय एडवेंटझ? |
| प्रकल्प प्रस्तावकाची जाप | - हय. प्रस्तावीत प्रकल्प फॅक्टरीच्या सद्याच्या वाठारांतच उबारतले.<br>- सगळे तरेचे सादुरतायेचे उपाय करतले.<br>- हो प्रकल्प झुवारी एग्रो कॅमिकल्सान हातांत घेतला. 'एडवेंटझ' हें उद्देग-समुहाचें नांव आसा, जातूंत झुवारी एग्रो कॅमिकल्स आसपावता. |

| | |
|---|---|
| 5. | एडवर्ड फर्नांडीस, विद्यानगर |
| प्रस्न. | - प्रकल्प बरो आसत जाल्यार आमची हरकत ना. पूण कंपनीन भौसा मुखार येवपाक जाय, भौशीक सुवातीचेर बसका घेवंक जाय, खाजगी थळाचेर न्हय. तशेंच असल्यो बसका भौशीक सुटये दिसा जावंक जाय. कंपनीन विस्कावणी करून माहिती दिल्यार प्रस्न उप्रासचो ना. आमकां हे भौशीक सुनावणे विशीं कांयच खबर नाशिल्ली. |
| प्रकल्प प्रस्तावकाची जाप | प.प्र.त. अधिसुचोवणे प्रमाण हे भौशीक सुनावणेची फावो तितली प्रसिध्दी केल्ली. तातूंत खबरापत्रांनी (म्हणल्यार हेराल्ड, नवहिंद टायम्स, इंडियन एक्सप्रेस आनी तरूण भारत) प्रस्तावीत सुनावणे आदी एक म्हयनो जायरात दिवप, टी.व्ही. चॅनल (गोवा 365, एच.सी.एन. आनी प्रुडंट मिडिया) हांचेर जायरात दिवप, लागींच्या वाठारांनी वाहनाचेर लावडस्पीकर लावन घोशणा करप, हांचो आसपाव आशिल्लो. |
| 6. | मनोज नायक, उमिया हॅबिटेट, सांकवाळ -चो प्रतिनिधी |
| प्रस्न | - पर्यावरणी भौशीक सुनावणे विशीं खबर नाशिल्ली. सी.एस.आर. उपक्रमां खाला सांकवाळ गांवा खातीर कितलो खर्च केला? झोपडपट्टी वाठारांत रावपी लोकां खातीर कितें केलां?<br>- कोयर एकठांय करपाचे नदरेन कंपनी कित्याक पावल उबारिना.<br>- उमिया हावजिंग सोसायटींत अमोनियाच्या वासाक लागून त्रास जात.<br>- तपासणी/ देखरेख हांचे खातीर समिती नेमूंक जाय. |
| प्रकल्प प्रस्तावकाची जाप | - ताच्या प्रस्नांची दखल घेतल्या. भौशीक सुनावणेचे प्रसिध्दी विशीं आदले प्रमाण जाप. |
| 7. | सायमन डि'सौजा, सांकवाळ. |
| प्रस्न | - झुवारी आनी कोम्युनिदादी हांचे मदीं जाल्ल्या करारा प्रमाण सांकवाळ गांव दत्तक घेवपाचो आशिल्लो, हें मतींत हाडून दिलें.<br>- कंपनीन गांवांत कसली उदरगत केल्या? लोकांक दुयेंसां जातात, |

| | |
|---|---|
| | प्रदुशणाचो त्रास जाता, झाडां वाडनात, उदकाक वास मारता- कंपनीन हे बाबतींत कितें केलां?<br>- सी.एस.आर. रकमेंतली कितली रक्कम सांकवाळ गांवा खातीर खर्च केल्या ?<br>- सांकवाळांतल्या पात्र लोकांक कंपनीन रोजगार दिवंक जाय. |
| जाय | - सी.एस.आर. उपक्रमांचो हाचे आदींच अहवालांत उल्लेख जाला. झुवारीनगर हो सांकवाळचोच वांटो आसा. |

| | |
|---|---|
| 8. | फेलिक्स दा कोश्त - माजी कर्मचारी, झुवारी कंपनी |
| प्रस्न | कंपनीच्या निवृत्त कर्मचाऱ्यांचे भलायकी विशयांत कंपनीची जापसालदारकी कितें आसा? भलायकी हफ्तो फारीक करूंक ना. कंपनीन कर्मचाऱ्यांच्या भलायकीच्या प्रस्नां कडेन लक्ष दिवंक जाय. |
| जाप | नोंद घेतल्या. |
| 9. | मनोज नायक, उमिया हॅबिटेट हावजिंग सोसायटीचो प्रतिनिधी. |
| प्रस्न | - जायते घटक प्रदर्शीत केल्ल्या निकालां मदीं आसपावंक ना.<br>- कोयर एकठांय करपा खातीर गांवाक कंपनीन वाहन दिवंक ना.<br>- गों.रा.प्र.नि. मंडळान एक म्हयनो स्रावांची तपासणी केली. पूण त्या काळांत अमोनियाचे स्तर सारके आशिल्ले. पूण तपासणी बंद जातकीच ते रोखडेच वाडले.<br>- भौशीक सुनावणे विशीं खबर नाशिल्ली.<br>- प्रकल्पाक विरोध.<br>- तपासणी/ देखरेखीचे निकाल प्रदर्शीत करपाक जाय.<br>- फॅक्टरी लागींच्या झोपडपट्ट्यांनी रावपी लोकांक टॉयलेटीची वेवस्था करूंक ना.<br>- लोकांचे भलायकेचे प्रस्न विचारांत घेवंक ना.<br>- रस्त्याकुशींचो कोयर काडूंक जाय. |
| प्रकल्प प्रस्तावकाची जाप | - सगळ्या मुद्द्यांची नोंद घेतल्या. सी.एस.आर. उपक्रम राबयतना वयल्या सगळ्या मुद्द्यांचो विचार कंपनी करतली. |
| 10 | आर.जी. फुतार्द, फातोड्डें |
| प्रस्न | जमनीच्यो नोंदी, इन्वेंटरी रजिस्टर आदींची 417 हेक्टर जमनीचे सगळे तपशील कंपनीन दिवंक जाय. विशिश्ट उद्देशां खातीर जमीन दिल्ली. |
| प्रकल्प प्रस्तावकाची जाप | जमनीचो मुद्दो भौशीक सुजावणे भितर येना. जमनीचो मुद्दो संबंदीत प्राधिकरणां मुखार दवरूंक जाय. |

| 11 | टेरैन्स जॉर्ज, कुडका. |
|---|---|
| प्रस्न | प.प्र.त. अधिसुचोवणेच्या परिच्छेद 1.0, 2.4 आनी 3.3, परिशिश्ट IV प्रमाण, हे भौशीक सुनावणेची फावो तितली सुचोवणी / कळोवणी मेळूंक ना, अशी माहिती सांकवाळच्या लोकांनी दिल्या, देखून निशेध करून निवेदन दिलां.<br>हिमाचल प्रदेश उच्च न्यायालयाचो सी.डब्ल्यू.पी.क्र. 586/2010 आनी सी.डब्ल्यू.पी.आय.एल. 15/2009, हो 21/03/2012 तारखेचो आदेश उल्लेख करून आनी तातूंतले उतारे वाचून. गों.रा.प्र.नि. मंडळान स्वतंत्रपणान अभ्यास करूंक जाय आशिल्लो आनी लोकांच्या सहभागाची खात्री करूंक जाय आशिल्ली अशें मत मांडले.<br>सद्याच्या प्रकल्पा संबंदांत:<br>1. आयज चर्चा केल्ल्या विस्तार-प्रकल्पा सावन सद्याचो झुवारी उद्देग वेगळो आसा?<br>2. प्रक्रियाकृत उदकांतल्या फॉस्फेटाचे आनी नायट्रेटाचे स्तर सद्याच्या प्रकल्पांत सेगीत 25 भा.प्र.द. आसतात? प.प्र.त. सल्लागाराचे 'हय' हे जापेक विरोध करून, तांणी प.रा. मंत्रालयान 01/09/2009 दिसाच्या पत्रांत ते 250-300 भा. प्र.द सांपडिल्ल्याचें सांगलें.<br>3. फर्नास ऑयलीची गळटी जावची न्हय देखून सद्याच्या उद्देगांत सांठवण वाठार आसा?<br>प.प्र.त. सल्लागाराचे 'हय' हे जापेक विरोध करून, तांणी लागसारच्या पुराय वाठारांत फर्नास ऑयलीची गळटी जाल्ली अशें प.रा.मंत्रालयान 01/09/2009 दिसाच्या पत्रांत कळीत केल्ल्याचें सांगलें.<br>4. पर्यावरणी नेमांक कंपनी पाळो दितली हाची गॅरेंटी कितें?<br>विस्तार प्रक्लपा खातीरच्या फॉर्म-I संबंदांतले मुद्देः<br>1. कार्यान्वयन काळांत दिसाक 2.5 लाख लिटर उदकाची पुरवण करतना वाठारांत वा स्रोताचेर आशिल्ल्या 'उदका-दबावाचो' अभ्यास केला व्हय?<br>2. मातयेचें संदुशण उणें करपाच्यो पद्दती कसल्यो? तांकां लागून माती आपले मुळावे स्थिती कडेन पावता व्हय?<br>3. उद्देगांत घातक कोयर आसतलो व्हय? (4.3 भितर दाखयिल्ले प्रमाण). जर आसतलो जाल्यार 8.1 भितर |

| | |
|---|---|
| | कित्याक न्हयकारला? फॉर्म-I चो नियाळ करतकीच तो अर्दकुटो आसा अशें होलमता. सद्याच्या उद्देगांतल्यो अपुर्ततायो आनी रसायनीक साऱ्यांच्या वापराक लागून मातयेच्या कसाचेर जावपी परिणाम हांचे फांटभुंयेर हो प्रकल्प लोकहीत आनी पर्यावरण हांकां मारक थारतलो. |
| जाप | सद्याच्या प्रकल्पा संबंदांतले मुद्दे:<br>1. ना. सद्याच्या उद्देग-वाठारांतच नवो उद्देग येतलो.<br>2. हय. हालींच्यो नोंदी सेगीत नियमांची पुर्तताय दाखयतात.<br>3. हय. हालींच्यो नोंदी सेगीत नियमांची पुर्तताय दाखयतात.<br>4. आपल्या उपक्रमा कडेन संबंदीत सगळ्या पर्यावरणी नियमांची पुर्तताय करूंक झुवारी कंपनी कटिबद्ध आसा.<br>विस्तारा खातीरच्या फॉर्म-I संबंदांतले मुद्दे:<br>1. विस्तारीत प्रकल्पा खातीर अतिरिक्त उदकाची गरज पडचीना. ही मेजणी फॉर्म-I भरतना करूंक नाशिल्ली. विस्तार जातकीच उदकाचो वापर दखल घेवपा इतलो उणो जातलो, अशें कंपनीन स्पश्ट केलां.<br>2. प्रकल्पाक लागून मातयेचो कस उणो जावचोना. शास्त्रीय नदरेन पळयल्यार मातयेची स्थिती पुराय रितीन मूळ पदाचेर हाडप शक्य नासता.<br>3. फॉर्म-I भितरली चूक हो मुद्दणदोश आसा. पूण प.प्र.त. अहवालांत प्रकल्पा कडेन संबंदीत घातक पदार्थ तांचें सुरक्षीत वेवस्थापन आनी नियंत्रण हांचे विशीं स्पश्टपणान माहिती दिल्या.<br>फॉर्म-I हो एक पूर्व-दस्तावेज आसता जो प.प्र.त. उपरांत सुदारता आनी तातूंतल्यान प.प्र.त. मसुदो तयार जाता, जो सगळ्यां खातीर उक्तो केला. |
| 12. | नवीन झा, एम.ई.एस. कॉलेजी लागीं. |
| प्रस्न | अमोनियाक लागून जावपी प्रदुशण आनी ताका लागून थळाव्या लोकांक जावपी त्रास हांचे खातीर कंपनी पावलां उबारतली आनी हें प्रदुशण थारायतली, ताची हमी तांणी कंपनी कडल्यान मागली. |
| जाप | कंपनीन तांच्या मुद्द्यांची नोंद घेतली आनी तंत्रीक सुदारणां उपरांत, वातावरणांतल्या अमोनियाच्या स्रावां संबंदांतले उपाय कंपनी करतली अशें सांगलें. |
| आयजचे भौशीक सुनावणेचे तारखे सावन 7 दिसां भितर जर खंयचेय व्यक्तीक लिखीत | |

हरकती/सुचोवण्यो/मतां उक्तावपाचीं आसल्यार तीं गों.रा.प्र.नि. मंडळा कडेन सादर करूं येतात, अशें अध्यक्ष/ अतिरिक्त जिल्ल्याधिकारी हांणी सांगलें. तीं सुनावणेचो वांटोच कशे मानतले आनी संबंदीत नियमन प्राधिकारिणी कडेन धाडटले, अशें तांणी सगांलें.

अशे तरेन नोंद केल्लें इतिवृत्त जमिल्ल्या लोकां मुखार इंग्लीश आनी कोंकणीतल्यान वाचलें आनी उपरांत लोकांच्यो सुचोवण्यो मान्य करतकीच ताचेर श्री. जॉन्सन फर्नांडीस, अतिरिक्त जिल्ल्याधिकारी-II (दक्षिण गोंय) आनी श्री. संजीव जोगळेकार, पर्यावरणी अभियंतो, गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळ हांणी निशाणी केली.

हे भौशीक सुनावणेक हाजीर आशिल्ल्या 124 जाणांनी हजेरी पटाचेर निशाणी केल्या.

एकूण 4 लिखीत निवेदनां आयज प्राप्त जाल्यांत.

11 जुलाय, 2016 दिसा.

**(संजीव जोगळेकर)**
**पर्यावरणी अभियंतो**

**(श्री. जॉन्सन फर्नांडीस)**
**अतिरिक्त जिल्ल्याधिकारी-II**
**(दक्षिण- गोंय)**